गोंय कर्मचारी निवड आयोग कार्यालय
6वो माळो, 3री लिफ्ट, स्पेसीस बिल्डिंग, पाटो प्लाझा, पणजी-गोंय – 403001
वॅबसायट: gssc.goa.gov.in

प्रस्नपत्रिके (सीबीटी) संबंदी कागाळ नोंद करपा खातीर उमेदवारांक सुदारीत सुचोवण्योः

1) उमेदवाराच्या खात्यांत सीबीटी प्रस्नपत्रिका उपलब्ध आसतली. गोंय कर्मचारी निवड आयोगाच्या संकेतथळार उमेदवाराच्या कॉर्नरांत 'म्हजी प्रस्नपत्रिका' gssc.goa.gov.in ह्या टॅबार क्लिक करून उमेदवारांनी दिल्ली प्रस्नपत्रिका तपासून पळोवची, अशी विनंती.

2) उमेदवाराक जरी कसलीय कागाळ आसल्यार, दर एका प्रस्नाचेर रू. 100/- शुल्क फारिकणी करून तो कागाळ करूंक शकता.

3) उमेदवारान, ताच्या/तिच्या कागाळची हार्ड कॉपी, सकयल दिल्ल्या आरुपांत, गोंय कर्मचारी निवड आयोग कार्यालय, 6वो माळो, 3री लिफ्ट, स्पेसीस बिल्डिंग, पाटो प्लाझा, पणजी-गोंय हांकां खंयचेय नॅशनलायइड/ शेड्यूल बँकेच्या नांवांन, गोंय कर्मचारी निवड आयोगाचे वतीन पणजी गोंय हांगां फारिकणी करूंक, तारखे सावन कामाच्या तीन दिसां भितर सादर करूंक जाय, पस्न पत्रिका आयोगाचे वॅबसायटीचेर अपलोड केल्ली आसा. पर्यायान, उमेदवार आयोगाच्या कार्यालयांत उपलब्ध आशिल्लो क्यूआर कोड स्कॅनींग करून ऑनलायन शुल्क फारिकणी करूंक शकता. यूपीआय ट्रान्जॅक्शन आयडी कागाळ अर्जाचेर उल्लेखीत करूंक जाय.

4) उमेदवारान कागाळ निवारण अर्जा वांगडा आपली प्रस्नपत्रिका सादर करची. खुबश्या कागाळीं खातीर स्वतंत्र प्रस्नपत्रिका सादर करपाची गरज ना.

5) वयर उल्लेखीत कालावधी उपरांत आयिल्ले खंयचेच कागाळीक आयोग विचारांत घेवचे नात.

6) वयर उल्लेखीत केल्ले प्रमाणें आयोगाक मेळिल्ले कागाळीचो नियाळ घेतले.

7) कागाळी निवारणा उपरांत गुणाचे नियतनः-

ए) जाणी दिल्ल्या पर्यायांची खंयचीच निवड करूंक ना वा प्रस्न सोडूंक ना अशा उमेदवाराक गूण दिवचे नात.

बी) आयोगाचे वॅबसायटीर अपलोड केल्ली प्रस्ना खातीरची जाप कळ जरी चुकिची आसा, जाल्यारः

(i) अचूक पर्याय निवड केल्ल्या उमेदवाराक एक गूण दितले.

(ii) अचूक जाप सोडून निवड केल्ल्या हेर पर्याया खातीर उमेदवाराक गूण दिवचे नात.

(iii) अशे बाबींनी जंय उमेदवारान निवड केल्लो पर्याय जो जाप कळीन दर्शयला, जो चुकीचो थारला जाल्यार एक गूण वजा करतले.

सी) प्रस्न असो आसल्यारः

(i) चुकीचो

(ii) चुकीचे शब्द आसल्यार

(iii) डेटा सारखो नासल्यार

(iv) डेटा अपुरो आसल्यार

जाल्यार उमेदवार, “(ई) वयलो कोणूच ना” पर्याय निवडूंक शकता आनी उपरांत तज्ञाच्या मतान अशे तरेच्या प्रकरणांनी जांणी हो पर्याय निवडला तांकां गूण दितले.

डी) कागाळ मेळ्ळ्या उपरांत, जरीय तज्ञाक एका प्रस्ना सामकार दोन पर्याय अचूक जापो म्हूण मेळ्ळे, जाल्यार दोना भितरलो एक पर्याय निवडपी उमेदवारांक एक गूण दितले.

## वॅबसायटीचेर अपलोड केल्ले प्रस्न पत्रिके संदर्भांत (सीबीटी) उमेदवाराची तक्रार

जायरात क्रः पदाचें नांवः

सीबीटीची तारीखः प्रस्न क्र:

| प्रस्न | उमेदवारान सुचयिल्ली जाप | संदर्भ सामुग्री (प्रत जोडूंक जाय) | शेरो,जरी खंयचोय आसल्यार. |
|---|---|---|---|
| (ए)<br>(बी)<br>(सी)<br>(डी)<br>(ई) | | पुस्तकाचें नांवः<br><br>बरोवप्याचें नांवः<br><br>पान क्रः<br><br>प्रकाशकाचें नांव आनी नामो:<br><br>प्रकाशनाचें वर्सः | |

यूपीआय ट्रान्सॅक्शन आयडीः ________________________

टीपः

1. दर एका प्रस्ना खातीरचो अर्ज वयर दिल्ल्या आरुपांत, अनिवार्यपणान अर्जांतलो प्रस्न क्रमांक उल्लेखीत करून वेगळ्या पानाचेर करूंक जाय.

2. तर्कशास्त्र वा गणितीय समस्या संबंदीत कागाळीं आसल्यार उमेदवारान अर्जा वांगडाच एक सविस्तर उपाय दिवंक जाय जो ताका/तिका योग्य उपाय आसा अशें दिसता.
3. वयर उल्लेखीत सुचोवण्यांनी नमूद केल्ले वेळ मर्यादे भितर सगळ्यो कागाळी घेतले.

अर्ज आयडीः____________________ अर्जाची तारीखः ____________

उमेदवाराची सयः __________________________________________

उमेदवाराचें नांवः___________________________________________